राजश्री कामत राष्ट्रीय खबरो 03.05.2025 @ 8.40 am

मुखेल खबरो

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज नवी दिल्लींत आंगोलाचे अध्यक्ष जोआओ मॅन्युएल गोंकाल्व्हेस लॉरेन्को हांचे कडेन प्रतिनिधी मंडळ पातळेचेर उलोवणी करतले.

मुंबयंत जाल्ल्या संवसारीक ऑडियोव्हिज्युअल आनी मनरिजवण शिखर सभेंत - वेव्स 2025 त क्रिएट इन इंडिया चॅलेंज (सीआयसी) सीझन 1 काल सोंपलो.

राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू आयज नवी दिल्लींत पयल्या राष्ट्रीय मध्यस्थी परिशदेचें उक्तावण करतली.

राती पाकिस्तानान विनाकारण केल्या फरपेटीचे भारतीय सैन्यान फाव ते प्रत्युत्तर दिले.

2024-25 वर्साच्या फुटबॉल हंगामा खातीर सुभाषिश बोस हाका वर्साचो सर्वोत्तम दादलो खेळगडो, जाल्यार सौम्या गुगुलोथ हांकां बायल सर्वोत्तम खेळगडी म्हण पुरस्कार फावो जालो.

मोदी 90

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज नवी दिल्लींत आंगोलाचे अध्यक्ष जोआओ मॅन्युएल गोंकाल्व्हेस लॉरेन्को हांचे कडेन प्रतिनिधी मंडळ पातळेचेर उलोवणी करतले. वेगवेगळ्या मळार द्‌विपक्षीय सहकार्य वाडोवपा खातीर दोनूय देश साबार कबलाती करपाचे आसात. आंगोलाचे अध्यक्ष काल भारताच्या तीन दिसांच्या भोंवडेर नवी दिल्ली पावले. विमानतळार तांकां खाशेलो येवकार दिलो आनी परराश्ट्र राज्यमंत्री कीर्ति वर्धन सिंग हाणी तांकां येवकार दिलो. ताचे वांगडा जायते मंत्री, वरिश्ठ अधिकारी, वेवसायीक कुटुंबां आनी प्रसार माध्यमांचे उच्च पांवड्यावेले शिश्टमंडळ आसा. राष्ट्रपती भवनाच्या प्रांगणात आयज राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू लॉरेन्को हांका औपचारिक येवकार दितली. ते मुर्मू हांचे कडेन चर्चा करतले आनी राष्ट्रपती मुर्मू भेट दिवपी मानेस्तांच्या सन्मानार्थ मेजवानी दितली.

वेव्स 240

मुंबयंत जाल्ल्या संवसारीक ऑडियोव्हिज्युअल आनी मनरिजवण शिखर सभेंत - वेव्स 2025 त क्रिएट इन इंडिया चॅलेंज (सीआयसी) सीझन 1 काल सोंपलो. एनिमेशन, गेमींग, आनी फिल्म निर्मिती ते एआय, संगीत, आनी डिजिटल कला मेरेनच्या माध्यम आनी मनरिजवण उद्देगाच्या दरेका क्षेत्रांतल्या सीआयसी खाला 32 वेगवेगळ्या आव्हानां जिखपी लोकांचो ह्या शिखर सभेंत भोवमान केलो. एक लाखां परस चड लोकांनी ह्या आव्हाना खातीर नोंदणी केली, तातूंत 60 वयर देशांतले 1,100 वयर आंतरराष्ट्रीय भाग घेवपी आशिल्ले. ह्या वेळार उलयतना केंद्रीय म्हायती आनी प्रसारण मंत्री अश्विनी वैष्णव हांणी हो इतिहासीक खीण अशें सांगून पयलेच खेपे फकत सृजनशीलते खातीर पुरस्कार दितात अशें सांगलें. मजगती माहिती आणि प्रसारण राज्यमंत्री डॉ. एल मुरुगन हाणी म्हणले की, ही माची तरुण मनांचे तंत्रज्ञानाकडे सर्जनशीलतेचे कशे मिश्रण करता हाचे एक सुंदर उदाहरण आसा. आकाशवाणी न्यूजकडे उलयताना संगीताच्या वाह उस्ताद श्रेणीतले विजेते आबाद अहमद हाणी म्हळे की, वेव्हजान शास्त्रीय संगीताच्या वाढी खातीर आणि प्रचाराक एक व्यासपीठ उपलब्ध करून दिले.ॲनिमेशनच्या अनरिअल सिनेमॅटिक्स चॅलेंज श्रेणीतले विजेते संजय सेंथिल कुमार हाणी आकाशवाणी न्यूजक सांगले की, वेव्हजान दिले मार्गदर्शन तांका इफेक्ट्स आर्टिस्ट आणि थ्रीडी पत्रकार जावपाचे स्वप्न पूराय करपाक मदत करतले. फामाद चित्रपट अभिनेता शाहरुख खान हाणीय आपले विचार उक्तायले

आज तिसऱ्या दिसा कम्युनिटी रेडिओवेली राष्ट्रीय परिशद जातली. व्यक्तींक सशक्त करपा खातीर आनी थळाव्या समाजा कडेन चड प्रभावीपणान जोडपाची तांक वाडोवपा खातीर ताज्या प्रवृत्ती, धोरणां आनी कार्यावळींचेर ह्या परिषदेत चर्चा जातली.

मुर्मु 80

राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू आयज नवी दिल्लींत पयल्या राष्ट्रीय मध्यस्थी परिशदेचें उक्तावण करतली. भारताचे मुखेल न्यायाधीश न्यायमूर्ती संजीव खन्ना आनी केंद्रीय कायदो आनी न्याय मंत्री अर्जुन राम मेघवाल हेय परिशदेंत उलोवप करतले. ही कार्यावळ भारताच्या ॲटर्नी जनरल कार्यालयान कायदो आनी न्याय मंत्रालयाच्या सहकार्यान घडोवन हाडल्या. नवी दिल्लींत प्रसार माध्यमां कडेन उलयतना ॲटर्नी जनरल आर वेंकटरमणि हांणी सांगलें, की हे परिशदेंत व्हड प्रमाणांत मध्यस्थ आनी लवाद संस्थाक एकठांय हाडटले, जाका लागून मध्यस्थी प्रक्रिये संबंदींच्या सर्वोत्तम पद्दतींचेर चर्चा करपाक आनी आदान-प्रदान करपाक मेळटली.

UP 85

उत्तर प्रदेशांतल्या शाहजहांपूर जिल्ह्यांतल्या गंगा एक्सप्रेसच्या ३.५ किलोमीटरच्या हवाय पट्ट्यार भारतीय हवाई दलान काल आपल्या ऑपरेशनल क्षमतेचे डोळे दिपकावपी  प्रदर्शन केले. या प्रकारचो हो पयलोच कार्यक्रम आशीलो जातून राफेल, जग्वार, मिराज २०००, एसयू-३० एमकेआय आणि मिग-२९ सारखी प्रगत लढाऊ विमाना , सी-१३०जे सुपर हरक्यूलिस आणि एएन-३२ सारखी येरायदारी  विमाना तसेच बहुमुखी एमआय-१७ व्ही५ हेलिकॉप्टर हांचो आस्पाव आशिल्लो. दीस आनी रात अशा दोन टप्प्यांनी जाल्ल्या ह्या हवाई प्रदर्शनांत संघर्श वा सैमीक संकश्टाच्या वेळार आपत्कालीन कार्यावळीं खातीर एक कार्यक्षम धांवपट्टी म्हणून एक्सप्रेस मार्गाच्या विमानपट्टीची चांचणी करपाचो हेतू आशिल्लो.

शाह 70

गृहमंत्री अमित शहा हाणी  सांगले की, नार्कोटिक्स कंट्रोल ब्युरोच्या अमृतसर झोनल युनिटान चार राज्यांमदी चार महिन्यांच्या कारवायेत ड्रग्ज डायव्हर्शन कार्टेलाचो नाश केला, ५४७ कोटी रुपयांचे ड्रग्ज जप्त केले आणि १५ जणांक अटक

केली. सोशल मीडिया पोस्टत शाह हांणी एनसीबीचे अभिनंदन केले आणि म्हणले की, भारत क्रूर आक्रमकतेन ड्रग्ज कार्टेलार कारवाय करता. प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या दृष्टीकोनातल्यान ड्रग्जमुक्त भारत निर्माण करपाच्या दिशेन हे एक व्हड पावल आसा अशे ताणी म्हळे

BJP 100

भाजपन आज काँग्रेसीचेर जातीय जनगणने विशी गोंधळ निर्माण करपाचो प्रयत्न केल्याचो आरोप केला. पक्षाचे प्रवक्ते संबित पात्रा हाणी नवी दिल्लीत माध्यमांक सांगले की, काँग्रेस आणि तांचे मित्रपक्ष स दसकां परस अधिक काळ सत्तेत आशिल्ले पुण उपरांत केन्नाच जातीय जनगणना केली ना. भाजपच्या फुडारपणाखाला सरकार पयलेच फावट जातीय जनगणना करतले अशे सांगिले. ही प्रक्रिया ध्रुवीकरणा खातीर न्हय तर धोरणात्मक परिवर्तना खातीर आसा अशे पात्रा हांणी म्हळे. काँग्रेसीन सरकाराक जातीय सर्वेक्षणाच्या प्रत्येक टप्प्या खातीर वेळापत्रक जाहीर करपाक सांगीले. नवी दिल्लीत जाल्या काँग्रेस कार्यकारिणीच्या बसकेत या संदर्भात एक थाराव मंजूर केलो. दोन दिसां आदी केंद्र सरकारान जाहीर केले की, आगामी लोकसंख्या जनगणनेत जातीय जनगणनेचो समावेश करतले

फायरिंग 25

02- आनी 03 मे मजगती रातीं जम्मू-काश्मीर केंद्रशासीत प्रदेशांतल्या कुपवाडा, उरी आनी अखनूर वाठारांनी नियंत्रण रेशेचेर पाकिस्तानी सैन्यान विनाकारण ल्हान शस्त्रांनी गोळीबार केलो. भारतीय सैन्यान बेगोबेग आनी फाव तो प्रत्युत्तर दिले.

NIA 110

राष्ट्रीय तपास संस्था (एनआयए)न काल पंजाबातल्या गँगस्टर हरप्रीत सिंग उर्फ हॅपी पासियान कडे संबंधित कितल्याशाच सुवातींची झडती घेतली. हरप्रीत सिंग

हो खलिस्तानी दहशतवादी हरविंदर सिंग उर्फ रिंडा हाचेकडे संबंधित आसा. शोध मोहिमे वेळार एनआयएन मोबाईल फोन, डिजिटल उपकरणा आणि कागदपत्रांसयत खुपशे गुन्यांवकारी साहित्य जप्त केले. एनआयएच्या मताप्रमाण, हरप्रीत सिंग सध्या अमेरिकेत आसा आणि तो पाकिस्तानस्थित बब्बर खालसा इंटरनॅशनल दहशतवादी रिंडा हाचो मुखेल कार्यकर्ता आसा. पंजाब आणि हरियाणातल्या वेगवेगळ्या पोलिस स्टेशन आणि पोलिस चौक्यांर हालीच्या.काळात जाल्या ग्रेनेड हल्ल्यांच्या मालिके फाटलो सूत्रधार हॅपी आशिल्याचे मानतात. वेगवेगळ्या देशात पसरलेले रिंडाचे कार्यकर्त्यांचे नेटवर्क दहशतवादी कारवायो करपाखातीर भारतातल्यान साथीदारांची भरती करपाक सक्रियपणान सहभागी आसात.

गोवा/गणेश 90

गोंयच्या फमद शिरगांव देवी लयरायेच्या जात्रेत फातोडर जाल्ले चेंगराचेंगरेत 6 जाणाक मरण आयले जाल्यार 50 परस चड लोक जखमी जाले. जखमींचेर दिवचल भलायकी केंद्र, म्हापसा जिल्लो हॉस्पिटल आनी गोय वैजकी हॉस्पिटलात उपचार सूरू आसा. मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हाणी मंत्री निळकंठ हळर्णकार, आमदार डॉ. चंद्रकांत शेट्ये हाणीम्हापसा जिल्लो हॉस्पिटलाक भेट दिवन जखमीची वासपूस केली आनी स्थिती जाणून घेतली. मरण आयील्ल्यामदी 4 जाण थिवीचे जाल्यार 2 जाण दिवचलचे आसा, अशी खबर गोपानी दिली.8 गंभीर दुयेतीक gmc तल्या सुपर स्पेशलीतित धडल्या तर 10 जाणाक किरकोळ दुखापत जालया आनी 2 जानाक डिस्चार्ज दिला.

हवामान 100

भारतीय हवामान खात्यान उदेंत आनी मध्य भारतांत 6 मे मेरेन गडगड, वीज, गार आनी वादळी वारया वांगडा पावस पडपाचो अदमास काडला.वायव्य भारतांत 7 मे मेरेन गडगड वा धुल्लच्या वादळा वांगडा पावस चालूच उरपाची शक्यताय आसा.

फाल्यां मेरेन बिहार, झारखंड, ओडिशा, अस्तंत बंगाल आनी सिक्किम हांगा वराक 40 ते 50 किमी.वेगान वारे व्हावू येता 6 मे मेरेन जम्मू-काश्मीर-लद्दाख-गिलगित-बाल्तिस्तान-मुझफ्फराबाद, हिमाचल प्रदेश आनी उत्तराखंडात गडगड, वीज आनी वादळी वारें वांगडा शिंपडुन ते मध्यम प्रमाणात पावस पडपाची शक्यताय आसा.

ईशान्य भारतांत फुडल्या सात दिसांत गडगड, वीज आनी वादळी वारें हांचे वांगडा व्हड ते खूब व्हड वा हलको ते मध्यम प्रमाणात पावस पडटलो असो अदमास हवामान खात्यान उक्तायला.

फुटबॉल 80

काल सांजवेळा भुवनेश्वरांत जाल्ल्या अखिल भारतीय फुटबॉल महासंघ (AIFF) च्या पुरस्कार 2025 सर्तींत 2024-25 वर्साच्या हंगामा खातीर सुभाषिश बोस हाका वर्साचो सर्वोत्तम दादलो खेळगडो, जाल्यार सौम्या गुगुलोथ हांकां बायल सर्वोत्तम खेळगडी म्हण पुरस्कार फावो जालो.

खालिद जमीलाक उत्कृश्ट दादलो प्रशिक्षक आनी सुजाता कार हांकां उत्कृश्ट बायल प्रशिक्षक म्हणून पुरस्कार फावो जालो. दादले आनी बायलो विभागांत अनुक्रमान विशाल कैथ आनी एलंगबम पंथोई चानू हांकां सगळ्यांत बरे गोलकीपर म्हणून वेचले. उदेते ब्रिसन फर्नांडीस आनी तोइजाम थोइबिसाना चानू हांकां वर्साचे सगळ्यांत आशादायक खेळगडे म्हणून भौमानीत केले.

क्रिकेट 60

आयपीएल क्रिकेटांत काल रातीं अहमदाबादांत येजमान गुजरात टायटन्सान सनरायझर्स हैदराबाडाक 38 धांवड्यांनी हारयले. फलंदाजी करपी गुजरात टायटन्सान

निर्धारित 20 षटकांत सह गडे वगडावन 224 धांवड्यो केल्यो. गुजरातचो कर्णधार शुभमन गिलान 38 बॉलांनी 76 धांवड्यो, जाल्यार जोस बटलरान 37 बॉलांनी 64 धांवड्यो केल्यो. आयज कर्नाटकांतल्या बेंगळुरूंत एम.आय.ए. चिन्नास्वामी स्टेडियमार यजमान रॉयल चॅलेंजर्स बेंगळुरू आड चेन्नय सुपर किंग्स खेळ जातलो. ही मॅच सांजवेळा 07:30 वरांचेर सुरू जातली.

आनी इतल्यान हयो राष्ट्रीय खबरो सोपलयो. आमचयो मुखावेल्यो राष्ट्रीय खबरो तुमका आयकुक मेळतल्यो सांजेच्या स वरा 30 मिनिटांचेर नमस्कार